॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ३६ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ आतां फाटल्या अध्यायांतलें आख्यान । मजेशीर चोरयेचें निरुपण । करपाचें दिल्लें आस्वासन । जायात तयार आयकुपाक ॥१॥ कथा न्हय ही स्वानंदजीवन । पियेता तितली वाडटली तान । तिचेंय करपाक शमन । कथांतर कथन जातलें ॥२॥ जें आयकून सुखावतलो श्रोता । अशी रसाळ ती ही कथा । निवारण जातली [१]संवसारश्रांतव्यथा । सुखावस्था मेळटली ॥३॥ इत्सा स्वहीत सादपाची । आसतली ज्या भाग्यवंताची । ताणें कथा ही श्रीसाईंची । आसचें सादर आयकुपाक ॥४॥ संतमहिमा अपरंपार । कोणाच्यान वर्णूंक जावचोना साचार । थंय म्हजो कितें अधिकार । जाणीव हाची पूर्ण म्हाका ॥५॥ इतलें पुरो वक्त्याचें हांवपण । साई कुशळटायेन स्वता जावन । कोणाय कडल्यान आपले गूण । दिता कथन करून भक्तांक ॥६॥ तो हो सर्वश्रेश्ठ सरोवरहंस । [२]हंसःसोहंवृत्ति –उदास । ब्रह्म–मुक्तसेवन [३]उल्हास । साहस जाका प्रचंड ॥७॥ जाका नासतना नांव गांव । आंगांत अपरंपार वैभव । खिणांत करता रंकाचो [४]राव । [५]भ्रुकुटी कुशळटाय ही जाची ॥८॥ तो हो तत्वज्ञान अवतार । दाखयता साक्षरुपान साक्षात्कार । नामानिराळो पयस अंतराचेर । रावून घडयता प्रकार तरातरांचे ॥९॥ तो जाचेर करता कृपा । दाखयता ताका

१. थकिल्ल्या भागिल्ल्यांची. २. हांव तोच तो, तो तोच हांव. ३. ब्रह्मरूप दाण्यांची खावड. ४. भिकाऱ्याक राजा. ५. कटाक्षलिला.

वेगळींवेगळीं रुपां । अघटीत घटना रचयता [1]अमुपा । आयकात तो प्रौढ प्रताप ॥१०॥ ध्यानान ताका जे वळखतात । वा प्रेमळ भजनां गायतात । कितेंच उणें तांकां करिनात । सांबाळटात पूर्णपणान ॥११॥ कथांची आपल्या आवड उपाट । म्हणून दितात स्मरण सतत । करून श्रोत्या वक्त्यांचें निमीत । करता मनोरथ पूर्ण भक्तांचें ॥१२॥ परमार्थाचे पूर्ण अभिमानी । प्रपंचाचेर सोडून पाणी । जाणें जोडलो चक्रपाणी । उद्धारले प्राण्यांक अनेक ॥१३॥ देशी विदेशी जांकां भजत । भक्तिध्वज जांचो फडकत । गरीब दुबळ्यांक आपयत । इत्सा पूर्ण करीत सगल्यांच्यो ॥१४॥ आसूं, आतां हें परम पवित्र । आयकात सादर साईचरित्र । श्रोत्या वक्त्यांचें श्रोत्र वक्त्र । जावचें पावन सगल्याक ॥१५॥ गोंयकार दोग गृहस्थ । आयिल्ले साईदर्शना पासत । दोगूय चरणां कडेन बसत । भोव संतुश्ट दर्शनान ॥१६॥ दोगूय जरी आयिल्ले वांगडाच । साई मागीत दक्षणा एकल्या कडेनूच । तोय काडून दीत रोखडीच । मागिल्ले प्रमाण रुपया पंदरा ॥१७॥ दुसऱ्या कडेन मागलेनात । तरीय तो पस्तीस काडून दीत । साई ते नाका म्हणीत । भोव अजापीत तो तेन्ना ॥१८॥ अशा त्या वेळार थंयच । [2]माधवरावूय आसले लागींच । पळोवन तो भेदभाव रोखडेंच । विचारलें तांणी बाबांक तें आयकात ॥१९॥ बाबा अशें कितें करतात । दोगूय ते सांगातान येतात । एकाल्याचीच दक्षणा मागून घेतात । न्हयकारतात दुसऱ्याची कित्याक ॥२०॥ संतां कडेन हो भेदभाव कित्याक । तुमीच दी म्हणटात एकल्याक । न्हयकारतात खोसयेन दिवप्याक । मन कित्याक मोडटात ताचें ॥२१॥ अल्पवित्तिं धरतात प्रिती । सगल्यां कडेन निसुवार्थी वृत्ती । आशिल्लों हांव जर तुमचे सुवातीं । वागचो नासलों असो केन्नाच ॥२२॥ ''शाम्या तुका खबर ना ।

१. व्हडा प्रमाणान. २. माधवराव देशपांडे म्हणल्यारूच बाबांचो शामा.

हांव कोणाचें कांयच घेना । [१]मशिदआई आपलें [२]देणें मागता जेन्ना । रिणामेकळो जाता दिवपी ॥२३॥ म्हाका कितें आसा घर । वा आसा म्हजो संवसार? । जी म्हाका पडची पयशांची जरूर । हांव बेफिकीर सगल्यां विशीं ॥२४॥ मात रीण वैर आनी घात [३]जिवाक । केन्नाच चुकना करप्याक । आंगयतात गरजे पुरते देवाक । कश्ट म्हाका [४]उद्धारप्याक ॥२५॥ तुमकां ना ताची काळजी । कामा पुरतीच करतात [५]अजीजी । रिणकारी ना असो जो भक्तां मदीं । ताका हांव राजी सदांच ॥२६॥ सुरवातीक हो गरीब ताका । [६]पंदरा दितांच आंगयलो म्हाका । पयलो पगार दितां तुका । विसरलो उपरांत सामकोच ॥२७॥ पंदरांचे जाले तीस, मागीर । तिसांचे साठ साठांचे शंबर । दुपेटीन चौपटीन वाडलो पगार । तरीय याद केलिना आंगवणेची ॥२८॥ करतां करतां सातशें जाले । कर्मधर्मान हांगा पावले । तेन्ना हांवें म्हजे [६]तेच मागले । दक्षणेच्या नांवान'' ॥२९॥ ''आतां आयकात दुसरी खबर । भोंवतना एकदां दर्यादेगेर । दिसलें एक व्हडलें घर । बसलों वासरेर वचून ताचे ॥३०॥ घराचो त्या धनी ब्राह्मण । आसलो धनीक आनी कुलीन । दिलो येवकार प्रेमान । दिवन अन्न उदक पोटभर ॥३१॥ थंयच एके वणटी कुशीक । आसलें जिका [७]कतरेल एक । दिलो जागो म्हाका न्हिदपाक । पडली सुस्त न्हीद रातभर ॥३२॥ न्हिदिल्लो म्हाका पळोवन । फोडली वणत फातर काडून । हळूच म्हजें बोल्स कातरून । चोरलें सगलें धन ताणें ॥३३॥ जागो जातकूच हें कळळें । खूब म्हाका रडपाक आयलें । रुपया तीस हजार गेल्ले । हळहळळें मन सामकें ॥३४॥ नोटींनीं भरिल्लो बोटवो तो । असो

१. मशिदीची अधिश्ठात्री देवता. २. कोणा कडल्यान येवपाचें आसा तें. ३. हत्त्या. ४. भक्तांचो उद्धार करप्याक. ५. भोव नमळायेन केल्ली विनवणी.
६. पंदरा रुपया. ७. वणटीक केल्ली सुपुल्ली आरमार.

जातकूच अचकीत रितो । सुटलो आंगाक थरथरो । ब्राह्मणूच उरफाटो समजायतालो ॥३५॥ चलना जालें अन्न उदक । जावन असो कफल्लक । पंदरा दीस रडत नशिबाक । रावलों बसून वासरेर ॥३६॥ पंदराव्या दिसा अचकीत । रस्त्यान भोंवतना विचारीत । दिसलो येतना फकीर एक । पळयलो म्हाका रडटना ॥३७॥ विचारलें दुख्खाचें कारण । केलें हांवें पुराय निवेदन । ताणें म्हणलें जातलें निवारण । आयकशीत जाल्यार म्हजें सांगणें ॥३८॥ फकीर एक तुका सांगतां । पूर्ण ताचो नामोय दितां । वचून धर ताचे चरण आतां । दितलो तुका तो धन तुजें ॥३९॥ पूण आदीं एक व्रत कर । हेत साध्य जाता म्हणसर । आवडट्या पदार्थाचो त्याग कर । कार्य साध्य जातलें तुजें ॥४०॥ तशें करतकूच फकीर गावलो । पयसो म्हजो म्हाका मेळळो । मागीर हांवें तो [१]वाडो सोडलो । लागलों प्रवासाक आदले वरी ॥४१॥ वाट चलतना लागलो पडाव । जायनासलो जातूंत [२]शिरकाव । इतल्यान एक शिपाय सुस्वभाव । दिलो म्हाका जागो पडावांत ॥४२॥ नशिबान तो प्रवास सोंपून । आयलो पडाव आलतडीन । आयलों घरा जेन्ना गाडयेंत बसून । दिसली मशिदमाई दोळ्यांक'' ॥४३॥ हांगा बाबांची कथा सोंपली । फुडें शामाक आज्ञा जाली । व्हर ही मंडळी सगली । आनी दी जेवण तांकां घरा कडेन ॥४४॥ आसूं, फुडें ताटां वाडलीं । माधवरावांची उमळशीक वाडली । सोयऱ्यां कडेन चवकशी केली । गजाल पटली व्हय ती तुमकां ॥४५॥ पळोवंक गेल्यार वास्तवीक । साईबाबा हांगाचे स्थायीक । ना दर्या व्हडें नावीक । खबर तांकां केन्नाच ॥४६॥ खंयचो ब्राह्मण खंयची हवेली । रुखा तळा जीण सरली । खंयच्यान हाडली संपत्ती इतली । जी मागीर चोरली चोरान ॥४७॥ म्हणून

१. घर, हवेली. २. वचप कुस्तार.

ही गजाल सांगली । तीय तुमी येतनाच सुरू केली । ते निमतान आमकांय पटयली । दिसता ती आदीं घडिल्ली ॥४८॥ तेन्ना सोयऱ्यांनी जावन सद्‌गद । म्हणलें साई खरेच सर्वज्ञ । परब्रह्म अवतार दुबावा विरयत । अद्वैत अभेद व्यापक ॥४९॥ तांणी जी सांगली आतां । अक्षरान अक्षर ती आमचीच कथा । जेवून जाले उपरांत सांगतां । तुमकां संपूर्ण सविस्तर ॥५०॥ बाबा जें जें उलयले । तें तें सगलेंच घडिल्लें । वळख नासतना तांकां कशें कळळें । म्हणून हें सगलें अघटीत ॥५१॥ आसूं, जाले उपरांत जेवण । माधवरावांच्या सांगातान । चलिल्लें खावप विडो-पान । तेन्ना कथा केली आरंभ ॥५२॥ एकलो लागलो सांगपाक । घांट होच म्हजो मूळ [१]मुलूख । पूण चरितार्थ चलोवपाक । दर्यावेळ हेंच साधन जोडीचें ॥५३॥ म्हणून गेलों गोंयांत । नोकरी मेळोवची दिसलें मनांत । आंगयलो ते खातीर श्रीदत्त । धावो करून ताचो आदरान ॥५४॥ देवा चलोवपाक घर संवसार । नोकरेची म्हाका गरज खर । जातले अनंत उपकार । दी मेळोवन आतां एखादी ॥५५॥ उलो म्हजो आयकून । करशीत जर पूर्ण आंगवण । पयली जोड जी हाडटलों जोडून । ओंपतां ती तुज्या चरणांचेर ॥५६॥ नशिबान दत्त प्रसन्न जालो । रोखडोच म्हज्या उल्याक पावलो । पंदरा रुपया मेळपाक लागलो । पगार सुरवातीकूच नोकरेचेर ॥५७॥ फुडें साई बाबांनी सांगली । तशीच म्हजी बडटी जाली । आंगवण मात पावोवपाची उरली । दिली याद तिची अशे तरेन ॥५८॥ दिसतलें घेतली दक्षणा बाबान । दक्षणा न्हय तें पावयलें रीण । निमतान केलें म्हाका स्मरण । पोरणे म्हजे आंगवणीचें ॥५९॥ तात्पर्य साई स्वता मागिनासले । भक्तांकूय मागपाक दिनासले । [२]अर्थ हो सदांच अनर्थ

१. वाठार. २. द्रव्य, पयशे.

मानताले । भक्तांक दवरीत पयस ताचे कडल्यान ॥६०॥ म्हाळसापती असलो भक्त । सदांच साईचरणीं अनुरक्त । जरी त्रासांनी चलयतालो चरितार्थ । ताका पसून दिनासले जोडपाक कुसकूटभर ॥६१॥ बरेचदां स्वता साई आपूण । दक्षणा म्हणून आयिल्लें धन । वांट्टाले लोकांक, पूण कवडी पसून । दिसानसले केन्नाच म्हाळसापतीक ॥६२॥ तेय व्हड अभिमानी । साई जरी अशे दानी । केन्नाच केलोना हात तांणी । येवन काकुळटेक बाबां मुखार ॥६३॥ अर्थीक स्थिती निकृश्ट । वैराग्य मात भोव उत्कृश्ट । भोगतालो गरिबीचेय कश्ट । अल्पसंतुश्ट सदांच ॥६४॥ एकदां एका वेपाऱ्याक सहज । नांव जाचें 'हंसराज' । म्हाळसापतीची वळखून गरज । दिसलें करचो आदार ॥६५॥ पळोवन गरिबीचो संवसार । करचे शक्य तितले उपकार । लावचो थोडोभोव हातभार । आयलो सहज हो विचार ॥६६॥ अशी जरी ताची अवस्था । हेर कोणूय जरी दिवपाक सोदता । तेंय आवडनासलें श्रीसाईनाथा । धना विशीं उदासता भावताली ॥६७॥ मागीर तो वेपारी कितें करतालो । तो जेन्ना दरबारांत मेळटालो । काडून आपलेपणान दितालो । पयशे थोडे हातांत ताच्या ॥६८॥ तरीय उपकार ताचे मानीत । म्हाळसापती ते करतालो परत । म्हणटालो साईंचे आज्ञे विरयत । घेवपाक शकना ते आपूण ॥६९॥ भक्त नाशिल्लो हो पयशांचो । व्हड भुकेल्लो तो परमार्थाचो । निसुवार्थी प्रेमळ उकत्या मनाचो । तन मनान तल्लीन चरणां कडेन ॥७०॥ हंसराज सांगताले साईंक । साई दिनासले कवडेकूय हात लावंक । म्हणटाले द्रव्य भुलयना म्हज्या भक्तांक । नाका वैभव ताका पयशांचें ॥७१॥ फुडें मागीर तो दुसरो सोयरो । आपलोय अणभव सांगपाक लागलो । आयकात ताणें तो कसो सांगलो । जातली खोस मनाक ॥७२॥ पस्तीस वर्सांचो म्हजो ब्राह्मण । निरालस आनी विस्वासू पूर्ण । दुर्दैवान दुर्बुद्दी सुचून । चोरलें धन

ताणें म्हजें ॥७३॥ म्हज्या घरांत वणटीक । भितर बसयलां कतरेल एक । काडून थंयचो चिरो एकेक । मारलो बुराक अचळय ॥७४॥ बाबांनी वयर जो केला उल्लेख । त्याच कतरेलाक मारलो बुराक । काडलो वणटीचो चिरो एकेक । घालून न्हीद सगल्यांचेर ॥७५॥ बाबांनी फुडें आनीक म्हणलें । रुपया म्हजे चोरून व्हेले । तेंय सगलें सत्यत्वान भरलें । गठ्ठोच व्हेलो नोटींचो ॥७६॥ ज्युस्त तीस हजारूच आसले । अजाप, बाबांक कशें कळळें । कश्टांनी जोडिल्लें वतकूच सगलें । बसलों हांव रडत दीसरात ॥७७॥ थकलों अखंड येवजून । निरशेलों विचार करून । पंदरा दीस काडले चिंतेन । तरीय सुचना करचें कितें ॥७८॥ एका दिसा वासरेर । बशिल्लों आसतना करीत विचार । वतालो वाटेन एक फकीर । प्रस्न करीत करीत ॥७९॥ पळोवन म्हाका असो खिन्न । विचारलें फकिरान ताचें कारण । केलें ताका पूर्ण कथन । सांगलो उपाय ताणें आगळो ॥८०॥ कोपरगांव म्हालांत । शिरडी नांवाच्या गांवांत । साई म्हणून आसात संत । कर तूं तांकां आंगवण ॥८१॥ आवड तुजी ज्या खाणाचेर । ताचो पूर्ण त्याग कर । 'दर्शन तुमचें जायसर । सोडटां' अशें सांग तांकां ॥८२॥ अशें फकिरान सांगतकूच । अन्न सोडलें त्या खिणाच्यानूच । म्हणलें 'बाबा चोरी मेळटली तेन्नाच । दर्शन घेवनूच जेवतलों' ॥८३॥ फुडें एकूच पंद्रस गेली । कोण जाणा कशी बुद्द आयली । ब्राह्मणान आपणेंच हाडून दवरली । चोरिल्ली पोटली फुड्यांत म्हज्या ॥८४॥ म्हणलें आपणाक दुर्बुद्दी सुचली । तातूंतल्यान असली ही कृती घडली । आतां चरणांचेर तकली दवरली । 'माफी केली' अशें म्हणात ॥८५॥ आसूं, फुडें जालें गोड । साईदर्शनाची लागली ओड । तेय आयज पूर्ण केले [1]कोड । धन्य ही जोड भाग्याची ॥८६॥

१. इत्सा.

खिन्न मनान करीत विचार । बशिल्लों आसतना वासरेर । आयिल्लो जो म्हज्या सांत्वना खातीर । घडलीना भेट ताची परत ॥८७॥ जाका म्हजी कळकळ व्हड । आयलो जो काडून सवड । दाखयली म्हाका शिरडीची वाट । घडलिना भेट ताची परत ॥८८॥ जाची म्हाका भेट अचकीत । आयलो जो स्वताच सोदीत । वतना गेलो आंगवण मागीत । घडलिना भेट ताची परत ॥८९॥ आसुंये घडये तो फकिरूच । हो तुमचो अवलिया साईच । दर्शन आमकां घडचें ह्या हेतानूच । आयिल्लो दिवपाक लांच स्वताच ॥९०॥ कोणूय कितेंय घेवपाक संवकता । म्हाका ह्या दर्शनांत नासली मात्तूय इत्सा । फकिरूच आदीं मुखार काडटा । मेळोवपा खातीर धन ॥९१॥ तेंय धन जाचे आंगवणीन । मेळिल्लें आसलें कश्टां वीण । तो कितें म्हजे हे पस्तीसांचे दक्षणेन । आशेतलो अशें ना घडचेंच ॥९२॥ उरफाटे आमी मनीस अज्ञान । दिवंक आमकां परमार्थाचें ज्ञान । कश्टता करपाक आमचें कल्याण । हाडटा मार्गार ह्या निमतान ॥९३॥ म्हणुनूच हो अवतार । नाजाल्यार आमी अभक्त पामर । जावपाचो कसो हो भव पार । करात हो विचार सुसेगादीन ॥९४॥ आसूं, धन म्हजें मेळटगीर । जाली जी खोस अपार । तातूंत पडलो आंगवणीचो विसर । मोह हो खर धनाचो ॥९५॥ पळयात फुडें दीस एक । आसतना एकदां कुलाब्याक । सपनांत पळयले हांवें साईंक । गेलों शिरडीक थंयच्यानूच ॥९६॥ सांगली प्रवासाची खबर साईंक । मनाय जाली पडावांत चडपाक । शिपायान करतकूच यत्न । चुकले कश्ट हें सत्य ॥९७॥ अशां अनेक अडचणींतल्यान । पावलों जेन्ना पडावा मेरेन । खरीच एका शिपायान येवन । केली विनवणी म्हजे खातीर ॥९८॥ तेन्नाच व्हड्याचो अधिकारी । सुरवातीक जरी म्हाका न्हयकारी । दिवन सुवात आपले सरीं । केले उपकार म्हजेर ॥९९॥ शिपाया कडेन नासली वळख । म्हणटालो हांची

म्हजी आसा वळख । म्हणून आयलोना कोणूच आडावंक । बसलों पडावांत सुखान ॥१००॥ अशी ही खबर पडावाची । तशीच गजाल त्या शिपायाची । आमचे बाबतींत घडली जी । घेतात आपल्या माथ्यार हे श्रीसाई ॥१०१॥ पळोवन अशी अद्‌भूत स्थिती । कुंठीत जाता म्हजी मती । दिसता जशें पूर्ण जगतीं । भरल्यात आसुंये हे श्रीसाईच ॥१०२॥ ना अणूरेणूय पुरती । सुवात हांचे बगर रिती । दिली जशी आमकां प्रचिती । दितले तशीच हेरांक ॥१०३॥ आमी कोण, खंय रावताले । भाग्य आमचें व्हड कितलें । बळयां आमकां ओडून व्हेले । हाडले वाटेर अशे हे ॥१०४॥ कशें आमचें धन चोरप । कशी आमी आंगवण करप । ती पावोवपाचें अजाप घडप । धनूय मेळप आपसूक ॥१०५॥ कितलें आमचें भाग्य गहन । नासलें जांचें आदीं दर्शन । नासलें श्रवण नासलें चिंतन । तांकांच स्मरण आमचें ॥१०६॥ मागीर तांचेच संगतींत । वर्सांचीं वर्सां जे [1]रमत । दीसरात तांचे चरण सेवीत । धन्य ते भक्त श्रीसाईंचे ॥१०७॥ जांचे वांगडा साई खेळळे । हांसले उलयले बसले चल्ले । जेवले न्हिदले तिडकले । व्हड ते सगले भाग्याचे ॥१०८॥ कांयच घडनासतना आमच्या हातांतल्यान । कळवळटात आमचे खातीर अशे तरेन । तशेच नित्य तुमच्याय सांगातान । भाग्यस्थिती धन्य तुमची ॥१०९॥ दिसता तुमच्या पुण्याच्या बळार । घेवपाक लावन हो मनीस अवतार । तुमीच भाग्यवंतांनी घेवन फुडाकार । हाडून घेतली ही मुर्ती शिरडींत ॥११०॥ अनंत पुण्यायेच्या बळार । पावले आमी ह्या शिरडी थळार । दिसता आतां ह्या साईंच्या चरणार । ओंपची जीण पुरायेन ॥१११॥ साई सज्जन स्वता अवतार । महावैश्णवा प्रमाण [2]आचार । ज्ञानवृक्षाचो कोंबूच [3]साचार । सोबता

१. तल्लीन जायत. २. वागणें. ३. खरेपणींच.

हो भास्कर चैतन्यरूप ॥११२॥ आसूं, आमची ही पुण्याई । म्हणुनूच मेळळी ही मशीदआई । आंगवण आमची फेडून [१]घेई । दिवन दर्शन स्वताच ॥११३॥ आमकां होच आमचो दत्त । तांणीच सांगलें करूंक तें व्रत । तांणीच बसयले पडावांत । हाडले दर्शनाक शिरडींत ॥११४॥ अशी सर्वव्यापकतायेची । आपूण सगल्यांच्या काळजांत म्हणपाची । साईंनी जाणविकाय योग्य ताची । दिली गवाय म्हणून सगल्यांक ॥११५॥ पळोवन खुशाल मूख । जालें मनांत परम सूख । प्रपंचांत विसरले प्रपंचदुख्ख । उपाट खोस परमार्थांत ॥११६॥ घडपाचें घडूं दीं [२]प्रारब्धगतीं । अशी जावची निश्चीत मती । साईचरणांचेर अखंड प्रिती । आसची ही मुर्ती नित्य दोळ्यांत ॥११७॥ साईंची लिला अगाध अगम्य । उपकारांक ना मेर शीम । दिसता दयाळा तुमचे वयल्यान । उडोवची उंवाळून कूड ही ॥११८॥ आसूं, आतां आयकात कथांतर । जागरूक जावन खीणभर । साई मुखांत उलयले जें अक्षर । तो तर एक ब्रह्मलेखूच ॥११९॥ सखाराम औरंगाबादकर । राबितो शारांत सोलापूर । पुताची इत्सा धरून खर । घरकान्नी वांगडा आयले शिरडींत ॥१२०॥ साई संत पवित्र । आयकून तांचें चरित्र । वांगडा घेवन सवतीचो पूत । आयली आदरान दर्शनाक ॥१२१॥ वर्सां सत्तावीस 'न्हालीं' । आस धरून रावली । एकवतां, आंगवणीनी थकली । निरशेली पुराय मनांत ॥१२२॥ आसूं, सवायशीण ती धरून हेत । आयली दर्शनाक शिरडींत । पावली जेन्ना दरबारांत । आयलो मनांत विचार एक ॥१२३॥ बाबा नित्य भक्तांच्या गराड्यांत । मेळटले कशे ते एकांतात । कसो सांगचो तांकां हेत । जाली चिंतेस्त ती मनांत ॥१२४॥ उगडी मशीद उगतें आंगण । बाबां भोंवतणी कायम भक्तगण । कसो मेळत एकोडो खीण ।

१. पावोवन घेतली. २. नशिबांतलें.

सांगपाक तांकां मनांतलें ॥१२५॥ ती आनी तिचो पूत । नांव जाचें विश्वनाथ । रावलीं बाबांची सेवा करीत । दोन म्हयने अखंड ॥१२६॥ एकदां विश्वनाथ वा कोण आनीक । नात तें पळोवन बाबांच्या लागसराक । अस्तुरेन ते माधवरावांक । केली विनवणी ती आयकात ॥१२७॥ तुमी तरी पळोवन संद । म्हज्या मनाचो हो हेत । आसतना बाबा बशिल्ले शांत । घालात मूं तांच्या कानार ॥१२८॥ तेय जेन्ना आसतले एकले । भक्त लागसराक नासतले । सांगात म्हज्या मनांतलें । आयकुचो ना कोणूच अशे तरेन ॥१२९॥ माधवरावांनी सांगलें ताचेर । मशीद ही केन्नाच नासता बेकार । कोण ना कोण दर्शना खातीर । येतूच आसतात कायम ॥१३०॥ उगतो हो दरबार साईंचो । हांगा ना कोणाक कोण आडावपाचो । तरीय पूर्ण करपाक हेत तुजो । करतां यत्न संद मेळटा तेन्ना ॥१३१॥ यत्न करप म्हजें काम । यश दिवपी मंगलधाम । निमाणो तोच दितलो आराम । हुसको तुजो सोंपतलो ॥१३२॥ बाबा जेन्ना जेवपाक बसतात । आसनाचेर आपल्या सभामाटवांत । तेन्ना तूं घेवन बस हातांत । नाल्ल एक आनी उजवाती ॥१३३॥ मागीर तांचें जातकूच जेवून । खुशाली तांच्या मनाची पळोवन । हांव आपयतां तुका खुणेन । तेन्नाच वयर येवचें तुवें ॥१३४॥ आसूं, एकदां अशे तरेन । आयलो तिचो योग जुळून । साईंचें जेन्ना जाल्लें जेवून । मेळ्ळी संद तिका अचकीत ॥१३५॥ बाबा येतकूच हात धुवून । माधवराव ते पुशीत लुगटान । साई जेन्ना आसताले खुशाल मनान । तेन्ना कितें करताले पळयात ॥१३६॥ व्हड खुशालेन माधवरावांचो । बाबांनी चिमटो काडलो गालाचो । अशा वेळार त्या देव-भक्ताचो । आयकात संवाद प्रेमाचो ॥१३७॥ माधवराव विनयसंपन्न । तरीय बेठेच रागार जावन । बाबांक म्हणटाले फकांडान । लक्षण हें तुमचें बरें न्हय ॥१३८॥ नाका असलो देव खोडकर । गालाक चिमटे काडटा

जो खर । आमी कितें तुमचे ओशाळ । फळ हें कसलें सलगीचें? ॥१३९॥ बाबा तेन्ना तांकां म्हणीत । ''फाटल्या बात्तर पिळग्यांत । केन्ना लायला व्हय रे तुका हात । स्मरण जाता जाल्यार पळय'' ॥१४०॥ तेन्ना उलयले माधवराव । आमकां जाय असो देव । दितलो जो भुकेक [1]सदैव । मिठाय अभिनव खावपाक ॥१४१॥ नाका आमकां तुमचो मान । नाका सर्गलोकींचें विमान । वाडचें तुमच्या चरणीं [2]इमान । दियात इतलेंच दान म्हाका ॥१४२॥ तेन्ना बाबा लागले उलोवंक । आयलां हांव हांगा त्याच कामाक । लागलों तुमकां खावंक घालूंक । लळो म्हाका लागलो तुमचो ॥१४३॥ जातकूच अशें उलोवन । बाबा बसले आसनार वचून । माधवरावांनी करतकूच खूण । जाली सादूर ती अस्तुरी ॥१४४॥ खुणे सरशीं रोखडीच उठली । ताकतिकेन सोंपणां चडली । बाबांच्या फुड्यांत येवन रावली । नम्र जाली आदरान ॥१४५॥ तत्काळ चरणांचेर ओंपलें फळ । वंदिले मागीर चरणकमळ । बाबांनी आपल्या हातांनी तो नाल्ल । मारलो शेवटून दुरगाचेर ॥१४६॥ म्हणपाक लागले शामा हो कितें म्हणटा । नाल्ल हो चडूच गुडगुडटा । शामा तीच संद घेता । आयकात कितें सांगता बाबांक ॥१४७॥ म्हज्या पोटांत अशेंच गुडगुडूं । अस्तुरेच्या हे मना सारकें घडूं । अखंड मन तुमचे चरणीं जडूं । सुटूं तिचें कुवाडें ॥१४८॥ कृपा तिचेर करात । नाल्ल तो व्हंटयेंत घालात । समर्था तिका आशिर्वाद दियात । भुरगें तिका जावं दीं ॥१४९॥ तेन्ना बाबा तांकां म्हणटात । ''नाल्लान कितें भुरगीं जातात? । कसलीं हीं पोरकटपणा करतात । लागलां पिशें ह्या लोकांक'' ॥१५०॥ शामान म्हणलें आसा जाणवीक । तुमच्या उतरांचें कवतूक । लटांबर फाटीक लागतलें आपसूक ।

१. सदांच. २. विस्वास.

अशें मोलादीक उतर तुमचें ॥१५१॥ मात तूं सध्या धरशी भेद । दिनासतना रावशी आशिर्वाद । बेठोच घालीत बसशी वाद । नाल्लप्रसाद दी तिका ॥१५२॥ ''नाल्ल फोड'' बाबांनी सांगलें । 'व्हंटयेंत घाल' शामान म्हणलें । अशे दोगूय वादाक पेटले । हारले शेवटाक बाबाच ॥१५३॥ बाबांनी म्हणलें ''चल जातलें भुरगें'' । शामान म्हणलें ''केन्ना तें सांग सारकें'' । सांगलें ''लागतले बारा म्हयने'' । फोडलो नाल्ल आदळून ॥१५४॥ एक वळें दोगांयनी खालें । दुसरें ते अस्तुरेक दिलें । माधवरावान तिका म्हणलें । गवाय तूं म्हज्या उतराक ॥१५५॥ अस्तुरे तुका आयच्यान । वर्स जावचे आदीं पूर्ण । आयलेंना जर आवयपण । कितें हांव करतलों तें आयक ॥१५६॥ ''असलोच नाल्ल तकलेर मारून । ह्या देवाक मशिदींतल्यान । घालोना जर हांवें धांवडावन । नांव म्हजें ना सांगचों ॥१५७॥ अशा देवाक मशिदींत । रावपाक दिवचों ना कसोच । घेतली हाचो अणभव तूंच । निर्धार मान हो खात्रेचो'' ॥१५८॥ अशें मेळटकूच आस्वासन । अस्तुरेन ते धादोशेन । घालून पांयांचेर लोटांगण । गेली आपल्या गांवाक ॥१५९॥ पळोवन शामा [1]नित्यांकीत । राखचें भक्तमनोगत । साई प्रेमधाग्यान नियंत्रीत । आयलोना राग मात्तूय तांकां ॥१६०॥ खरें करपाक भक्तवचन । प्रणतपाळ करुणाघन । साई दयाळ भक्त आस्वासन । लाड पूर्ण करताले तांचे ॥१६१॥ शामा आपलो लाडको भक्त । लाड पूर्ण करप ताचे युक्त । संत भक्तसंकल्प पूर्ण करीत । हेंच जाणात एकवत तांचें ॥१६२॥ आसूं, अस्तुरेक ते उतर दिवन । सोंपचे आदींच म्हयने तीन । आयलें तिका गुरवारपण । पाळळें उतर बाबांनी ॥१६३॥ जाली आवय भाग्यान । पांच म्हयन्यांच्या भुरग्याक घेवन । आयली

१. वश.

घरकारा सांगातान । शिरडी दर्शनाक श्रीसाईंच्या ॥१६४॥ घरकारानूय खोसयेन । घालें पांयांचेर लोटांगण । पांचशें रुपया चरणीं दवरून । जालो कृतज्ञ तो मनांत ॥१६५॥ बाबांचो घोडो श्यामकर्ण । ताचें सध्याचें [1]निवासस्थान । ताच्यो वणटी घेतल्यो बांदून । खर्चून तेच रुपया मुखार ॥१६६॥ म्हणून असो साई भजचो । साई चिंतचो, साई स्मरचो । होच सुसेग हेमाडाचो । खंयच धांवाधांव करची न्हय ॥१६७॥ आसतना कस्तुरी आपले बोंबलेंत । कित्याक भोंवचें [2]गल्लीबोळांत । जावन तल्लीन साईपदीं अखंडीत । भोगता सूख हेमाड अमर्याद ॥१६८॥ फुडलो अध्याय आनीकूय रसाळ । कशे बाबांक भक्त प्रेमळ । मशिदींतल्यान चावडे मेरेन । खोसयेन मिरवणुकीन व्हरताले ॥१६९॥ तशीच बाबांच्या हांड्याची कथा । प्रसाद दान विनोदवार्ता । फुडल्या अध्यायांत आयकात श्रोत्यां । मेळटली खोस आयकतना ॥१७०॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । साई सर्वव्यापकताय, तांचें आशिर्वचन, सफळटाय नांवाचो हो छत्तिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. तबेलो. २. खांची गोंयड्यांनी.